Aakashvani Panaji Regional Bulletin 7.25 am, 22nd October 2025

Rashmi

बुध्दीबळ हो सगळ्या खेळाचो राजा अशे म्हणटात. एकाग्रता आनी केंद्रित मनस्थितीत व्हरपी हो खेळ  फकत एक बरो खेळगडोच न्ही जाल्यार ताचे वरवी एक बरो फुडारी करपी,रणनीती आशिल्लो फुडारी घडटा अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला. ह्या खेळाचे महत्व लक्षात घेंवन गोंयच्या विद्यार्थ्यांक शाळांनी आनी म्हाविद्यालयांनी लेगीत बुध्दीबळ शिकयतात अशे मुखेलमंत्र्यान म्हळा. फिडे वर्ल्ड कपाचो लोगो आनी anthem song launch सुवाळ्या वेळार मुखेलमंत्री उलयले. **Byte- cm**गोंयात आता राश्ट्रीय तशेंच आंतरराश्ट्रीय पावड्यावेले नामनेचे कार्यक्रम जावपाक लागल्यात. फीडे चेस वल्ड कप 2025 ही आंतरराश्ट्रीय पावंड्यावेली खेळाची सर्त गोंयात आयोजित केल्यान गोंय सराकारा वतीन आयोजकांचे खेला मंत्री रमेश तवडकार हांणी उपकार मानल्यात. **Byte- ramesh tawadka**.

फीडे चेस वल्ड कप 2025 गोंयांत 31 ओक्टोबर ते 17 नोव्हेबंर ह्या काळात जाता.2002 वर्सा उपरांत आता भारतात ही सर्त वट्ट 23 वर्सा उपरांत जाता. उत्तर गोंयांतल्या बार्देश म्हालातल्या हडफडे गावातल्या रिओ ह्या रिर्सोटान ह्या सर्तीचे आयोजन केला. ह्या सर्तीत 82 देशातले 206 खेळगडी वाटो घेतले.

उजो

दिवाळेच्या आदल्या दिसा सत्तरींत नरकासूर महोत्सवा वेळार मोठ्यान संगीत वाजयता अशी कागाळ आयिल्ल्यान तणाव जाल्याच्या फाट भूयेर पुलीस अधिकाऱ्यांक खर कारवाय करून हातूंत आस्पाव आशिल्ल्यांक अटक करपाचो आदेश दिला अशें मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हांणी सांगलें.अशो घडणुको करपी, आनी तें पुलीस चौकी लागसार, तांका ओगी रावचे नात अशें

मुख्यमंत्र्यान सांगलें.कागाळदारान आपले गाडयेक उजो लायिल्ल्याचो बदलो म्हणून लोकांनी होंडा पुलीस चौकीचेर हल्लो केलो.
**byte**

सुशांत

फाल्यां फातोर्डाच्या जवाहरलाल नेहरू स्टेडियमांर  एफसी गोवा आनी अल नासर एफसी हांचे मदीं जावपी एएफसी लीग मॅची खातीर पुलिसांची खर सुरक्षा आसतली.दक्षिण गोंयचे पुलीस अधीक्षक हरीश मडकईकार हांणी ही माहिती दिली. आयज ताणी स्टेडियम वाठारांत हे सुरक्षेची रंगीत तालीम घेतली. फाल्यां जावपी मॅची खातीर दक्षिण गोंयच्या सुमार 650 पुलीसांची नेमणूक केल्या आनी येरादारी नियंत्रणा खातीर येरादारी खात्याचे अतिरिक्त पुलीस तैनात करतले अशी म्हायती मडकईकार हाणी दिली.

सुभाष

शिक्षित तरनाट्यांनी गोंय लोकसेवा आयोगाच्यो परीक्षा उत्तीर्ण जावन राज्य सरकारी नोकऱ्यो मेळावच्यो अशें आवाहन जी. पी. एस. सी. न केलां. राज्य सरकाराचें 'अ 'आनी 'ब ' गट अधिकाऱ्यांची नेमणूक आनी बडटी दिवपाचे काम जी. पी. एस. सी. करता. ह्यो नेमणूको आनी बडट्यो पारदर्शी पद्धतीन गुणांचेर आदारीत जाता अशें जी. पी. एस. सी.न सांगला. सगळ्या थळाव्या दिसाळ्यांनी तशेंच gpsc.goa.gov.in ह्या संकेतथळार दर म्हयन्याच्या दुसऱ्या शक्रारा पदा भरपाखातीच्यो जाहिराती प्रसिद्ध जातात अशें जी. पी. एस. सी. न कळीत केलां.

वेदर

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान 33. डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान 25डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला. राज्यात फुडले काय दिस काय वाठरांनी हल्को ते मध्यम प्रमाणात पावस पडू येता . अशे वेधशाळेन कळीत केला

**Sports**

आयर्लंडाच्या Nhat Nguyen, हांगा पयल्या फेरयेंत हार खावन भारताचे लक्ष्य सेन फ्रेंच ओपन सुपर 750 बॅडमिंटन सर्तींतल्यान भायर सरलो.